आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

**12.04.2025 @ 6.30**

राष्ट्रीय खबरो दिता

मुरमू

पुर्तुगाल आनी स्लोव्हाकियाची इतिहासीक भेटी उपरांत काल रातीं राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू नवी दिल्लीक परतली. थंय तिणें दोनूय देशां कडेन भारताचे द्विपक्षीय संबंद घटमूट करपाच्या हेतान उंचेल्या पांवड्यावेली बसका घेतली. राष्ट्रपती मुर्मू हाणी आपल्या स्लोव्हाकियाचे समपदस्त पीटर पेलेग्रीनीच्या आमंत्रणा वेल्यान स्लोव्हाकियाक भेट दिली. 29 वर्सांत भारतीय राश्ट्रपतीची ही पयलीच स्लोव्हाकियाची भेट. भेटी वेळार राष्ट्रपती मुर्मू हाणी पीटर पेलेग्रीनी, प्रधानमंत्री रॉबर्ट फिको आनी संसदेचे अध्यक्ष सयत ब्रातिस्लावांतल्या हेर मानेस्तांक मेळून परस्पर सहकार्या संबंदीत वेगवेगळ्या प्रस्नांचेर चर्चा केली.

पुर्तुगालाक भेटीचो पयलो पांवडो पुराय करून राष्ट्रपती मुर्मू स्लोव्हाकियाक गेली.27 वर्सांत दक्षिण युरोपी देशांत भारतीय राश्ट्रपतीची ही पयली भेट. भारत आनी युरोपीय संघ मुक्त वेपार कराराचेर वाटाघाटी करतात अशा वेळार ताची ही भेट थार ल्या. ह्या भेटी वेळार पोर्तुगालाच्या सर्वोच्च फुडाऱ्यां कडेन चर्चा केली आनी थळाव्या समुदायाकडे कडेय संवाद सादलो

हनुमान

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज हनुमान जयंती दिसा देशांतल्या लोकांक शुभेच्छा दिल्यात.संकश्ट पयस करपी भगवान हनुमान हांच्या आशीर्वादान सगले लोक निरोगी, सुखी आनी जिणेंत समृध्द उरचे अशें प्रधानमंत्री हांणी सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत म्हणलां.

शाह

छत्रपती शिवाजी महाराजाचें इतिहासीक थळ रायगड किल्ल्याची उदरगत देशांतल्या तरणाट्यां खातीर प्रेरणा स्त्रोत जावची म्हूण केंद्र सरकार आनी महाराष्ट्र सरकार दोगुय वचनबद्ध आसा अशें केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी म्हळा. महाराष्ट्रांतल्या रायगड किल्ल्यांर छत्रपती शिवाजी महाराजाक ताच्या 345व्या पुण्यतिथीनिमित्त श्रद्धांजली आणि पुष्पांजली अर्पण करताना तांणी हें सांगले. स्वराज्या खातीरचो लढो केन्नाच थांबूंक फावना असो छत्रपती शिवाजी महाराजाचो सासणाचो संदेश अशे शाहा हाणी  म्हळे. आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला केंद्र सरकार शिवाजी महाराजाच्या दृश्टीकोनाचे निष्ठापूर्वक पालन करता आनी भारताक पुराय संवसाराक आशेचो किरण म्हूण स्थापन करपा खातीर अथक परिश्रम घेता अशे ताणी मुखार म्हळे

UPI

कांय तंत्रीक समस्यांक लागून युनिफायड पेमेंट्स इंटरफेस-यूपीआय वेव्हार अंशतः चलनात अशें नॅशनल पेमेंट्स कॉर्पोरेशन ऑफ इंडिया (एनपीसीआय) न म्हणला. सोशल मिडियाचेर एनपीसीआयन दिल्ले पोस्टांत डिजिटल वेव्हार सुरळीत जावचे हे खातीर हो प्रस्न सोडोवपाक वावुरता अशें सांगलां.

रामाया

तेलंगणाचे वृक्षपुरुष म्हणून फामाद  आशीले पद्मश्री दरिपल्ली रमैया हांका  आज सकाळी तेलंगणातल्या  खम्मम जिल्ह्यात तांचो मूळ गाव, रेड्डी पल्ली हांगा मरण आयले. ताका काळजाचो आताक आयलो आनी ताका खम्माम सरकारी हॉस्पिटलांत दाखल केले  आनी उपचारा वेळार ताका मरण आयलें. कांय काळ ते  दुयेंत आशिल्ले. पर्यावरण संरक्षणात त्यांच्या अपवादात्मक योगदाना बद्दल २०१७ त रमैया हांका  पद्मश्री पुरस्कारान सन्मानित केले. ताणी आपल्या जिवितांत एक कोटी वयर रोपां लायलीं आनी झाडांच्या महत्त्वाबद्दल जागरूकता निर्माण करपाक खूप वावूरले. प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी, तेलंगणाचे  मुख्यमंत्री ए.रेवंत रेड्डी, केंद्रीय

मंत्री जी.किशन रेड्डी, राज्यमंत्री बी.संजय कुमार, उपमुख्यमंत्री भट्टी विक्रमरका, आनी वेगवेगळ्या पक्ष फुडाऱ्यांनी तांच्या मरणाचेर दुख्ख उक्तायलें

टेनिस

टेनिसांत पुण्यांत जाल्ल्या बिली जीन किंग कप आशिया-ओशिनिया गट 1 सर्तीत भारतान चायनीज तैपेईचो २-१ असो  पराभव केलो . श्रीवल्ली भामीदीपती आनी वैदेही चौधरी हांकां लागून टीम इंडियान प्लेऑफांत सुवात मेळोवपा खातीर म्हत्वाचें पावल उखल्लें. भारताचो हो सलग तिसरे जैत आनी ताका लागून तांकां हे प्रतिश्ठीत सर्तीत गूण तालिकेत  दुसरे सुवातेर पावपाक मजत जाली. भारताची निमाणी गट मॅच आयज कोरिया रिपब्लीक आड जातली. हे मॅचींत जैत मेळयल्यार भारतीय पंगडाक प्लेऑफांत सुवात मेळटली.

वेदर

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या तीन दिसांत आसाम आनी मेघालयांत व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास काडला. उप हिमालयाच्या अस्तंत बंगाल, सिक्किम आनी अरुणाचल प्रदेशांत आयज नेटाचो  पावस पडपाचो अदमास आयएमडीन दिला. हवामान खात्यान आयज उदेंत मध्य प्रदेश आनी उत्तर प्रदेशांतल्या कांय सुवातींनी गारांची वादळाची शक्यताय उक्तायल्या. 14 एप्रील मेरेन देशाच्या अस्तंत, मध्य आनी लागसारच्या उदेंत वाठारांनी हळुवार पावस पडपाची शक्यताय आसा अशें हवामान खात्यान सांगलां.

फुडल्या पांच दिसांत तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, दर्यादेग आंध्र प्रदेश, यानम, तेलंगना आनी कर्नाटकांत गडगड आनी वीज पडपा वांगडाच हळुवार ते मध्यम पावस पडटलो असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. अस्तंत राजस्थान, गुजरात, पंजाब आनी हरियाणाच्या कांय सुवातींनी फुडले 4-5 दीस उश्णताय ल्हार चालूच उरपाची शक्यताय आसा अशें आयएमडीन सांगलां.